राजश्री कामत प्रादेशिक खबरो  14.10.2025 @ 7.25 am

रश्मि/ राजेश  90

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मये  दीवचल, अस्नोडा,नास्नोडा, आनी म्हापशेच्या लावार्थ्यांक  म्हजे घर येवजणेचे अर्ज वांटले.म्हजे घर हो सरकारान चालीक लायील्लो  म्हत्वाचो उपक्रम .हो उपक्रम म्हळ्यार गोंयच्या जमनी आनी घरां सुदारणेंत एक मुखेल पावल आसा, कीचकट कारणांखातीर ज्या कुटुंबांक हक्क नाशिल्लो, कायदेशीर मालकी नाशील्ली  तांका ह्या उपक्रमावरवी आता हक्काचे घर मेळटले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. हाका लागुन आता अशा घरकारांक स्वाभिमान, आनी सुरक्षेसयत तांच्या घरान आपल्या स्वतच्या मालकीच्या घरान रावपाक मेळटले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

गणेश 80

लोकायुक्तांचे नेमणुकेची प्रक्रीया सरकारा कडल्यान सुरू आसा. नव्या लोकायुक्तांची नियुक्ती करतले, अशें निवेदन ऍडव्होकेट जनरल देविदास पांगम हांणी एका याचिकेवेले सुनावणे वेळार उच्च न्यायालयांत केलें. ह्या निवेदना उपरांत उच्च न्यायालयान ट्रॉजन डिमेलो हांची याचिका निकालांत काडली.

निवृत्त न्यायाधीश अंबादास जोशी हांचो कार्यकाळ सोंपले उपरांत राज्याचें लोकायुक्तपद रितें आसा.

35

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

रश्मि 110

राज्याच्या सहकारी क्षेत्रांत 2023-24 वर्सा 13,523 कोटी रुपया उलाढाल जाल्ली, जी 2022-23 वर्सा ₹9,923 कोटी आशिल्ली आनी अर्थीक कामगिरींत म्हत्वाची वाड जाल्या अशें सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हानी जाहीर केलें. वित्तीय वर्सा 2024-25 खातीर ऑडिट चालू आसा अशी म्हायती तांणी दिली. दुग्ध आनी प्राथमीक शेतकी पत सोसायटी आनी पत बँकां सयत सुमार एक हजार सक्रीय पत सोसायटी आसात अशें तांणी सांगलें. तांणी फुडें जाहीर केलें की त्रिभुवन विद्यापिठा कडेन सहकारी अभ्यासांत प्रमाणीकरण आनी पदवी कार्यावळी सुरू करपा खातीर एमओयू केला, जाचो हेतू ह्या क्षेत्रांत शिक्षण आनी कुशळटाय वाडोवपाचो आसा. 1 नोव्हेंबराक सहकार दीस मनयतले, उपरांत 14 ते 20 नोव्हेंबर मेरेन सहकार सप्तक मनयतले, तातूंत गोंयभर वेगवेगळे कार्यक्रम आसतले अशी म्हायती मंत्री सुभाश शिरोडकार हांणी दिली.

Sushant 130

दक्षिण गोंयच्यां जिल्होधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी एक नोटीस जारी करून दक्षिण गोंयांतल्या मोडपाक आयिल्ल्या आनी असुरक्षित इमारतीं विशीं जिल्लो प्रशासनाक म्हायती दिवची अशें कळीत केलां. अशो इमारती पालिकेच्या अधिकार क्षेत्रांत आसल्यार हे संबंदी म्हायती थळाव्या पालिकेक दिवची आनी नगरपालिका वाठारा भायर इमारतीं आसल्यार तेविशीं म्हायती संबंदीत भाग उदरगत अधिकारी कार्यालयाक दिवची अशें हे सुचोवणेंत म्हळां.

दक्षिण गोंयांत अश्यो जायत्यो असुरक्षित इमारती आसात. ज्यो लोकांक रावपाक धोक्याच्यो थारूंक शकतात. पूण तातूंतल्या जायत्या अशा इमारतींनी लोक अजूनय राबितो करुन रावतात. भौशीक सुरक्षेच्या नदरेन तशें करप धोक्याचे आसा आनी अशा इमारती संबंदी घडूंक शकता अशा खंयच्याय अप्रिय घडणुके खातीर इमारतीचो मालक जापसालदार आसतलो अशें नोटिशेंत म्हळां.

अशा इमारतींक लागून कसलोय अपघात जाल्यार लोकांक मजत करपा खातीर 112 क्रमांकाची हेल्पलायन सुरू केल्या आनी कसलीच आपत्ती आयल्यार दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी केंद्रांतल्या नियंत्रण कक्षांतल्यान 2794100 ह्या नंबराचेर संपर्क करचो असो उलो तांणी मारला.

DIP 60

कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन चित्रकला, डिजिटल कला सर्जनशील लेखन, कथाकथन, गायन, संगीत, नृत्य आनी अभिनय अशा विविध कला प्रकारांत वेगवेगळ्या पिराय गटा खातीर राष्ट्रीय पांवड्याचेर ऑनलायन वर्सुकीं "कलांतर 2025" कला महोत्सव आयोजीत करतले. ह्या कार्यक्रमाचे खाशेलपण म्हळ्यार बंदखण, वृद्धाश्रम, बायला आश्रयस्थान, बाल सुधारगृह आनी अनाथाश्रमातली भुरगीं सर्तींनी वाटो घेतात. कलांतर 2025 खातीर सगळ्या गटात ऑनलायन प्रवेश अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 21ऑक्टोबर

स्पोर्ट्स 30

फुटबॉलांत भारतीय वरिश्ठ दादल्यांचो पंगड आयज गोंयच्या पंडित जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमाचेर एएफसी आशियाई कप साउदी अरेबिया 2027 क्वालिफायर फायनलींत सिंगापूर आड खेळटलो.

कळंगूत असोसीएशनान गोवा प्रोफेशनल लीग फुटबॉल सरतीत चरचिल ब्रदरसाक 1 आड 0 फरकान हरायले

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 33.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता